# <u>कला सन्मान येवजणे खातीर ऑनलायन अर्ज करपाची सुविधा</u>

ता. 16 जुलय 2024

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन कला सन्मान येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. ह्या येवजणेखाला गरजू ज्येश्ठ कलाकारांक म्हयन्याक 2500/- रूपया आनी गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार फावो जाल्या कलाकारांक म्हयन्याक 3200/- रूपया अर्थीक मजत दितात. पूण ह्या येवजणेखाला अर्थीक मजत स्विकारपाची कलाकाराची तयारी आसपाक जाय आनी सरकाराकडल्यान कसलेच पेन्शन घवपी आसपाक फावना.

कला सन्मान येवजणे खातीर अर्ज करपा वेळार कलाकाराची पिराय 60 वर्सां पुराय जाल्ली आसपाक जाय. गरजू ज्येश्ठ कलाकाराची वर्सूकीं येणावळ 48,000/- वयर आसपाक फावना. कलाकारान कला आनी संस्कृतीच्या मळार योगदान दिल्ले आसपाक जाय वा कला आनी संस्कृतीच्या मळार वावर केल्लो आसपाक जाय. ह्या येवजणेखाला दर वर्सा निधी उपलब्ध आसा ते प्रमाण कलाकारांचे अर्ज अर्थीक मजती खातीर मंजूर करतात.

कला सन्मान येवजणे खातीर ह्या वर्सा सावन ऑनलायन अर्ज स्विकारपाची सुविधा सुरू करपात येता. कलाकार ह्या येवजणे खातीर घरा रावन गोवा ऑनलायन सर्व्हिस पोर्टल https://goaonline.gov.in वयल्यान अर्ज करपाक शकता. तशेंच कलाकार लागीच्या CSCs/VLEs केंद्राचेर भेट दिवपाक शकता. उत्तर गोंयांत 177 आनी दक्षीण गोंयांत 180 मेळून गोंयभर 357 अशीं केंद्रां आसात. कलाकारान अर्जा वांगडा आवश्यक दाखले जोडपाक जाय. कलाकार 14471 ह्या टॉल फ्री नंबराचेर फोन करून लागीच्या CSCs/VLEs केंद्राची म्हायती मेळोवक शकता. तशेंच कलाकार ग्रामीण मित्राकडेन संपर्क करपाक शकता.

कला सन्मान येवजणेचे अर्ज https://goaonline.gov.in चेर 11 जुलय ते 23 ऑगस्ट 2024 मेरेन उपलब्ध आसतले. चड म्हायती खातीर कलाकारांनी कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा भेट दिवची वा 0832-2404614 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

मजगती कला आनी संस्कृती संचालनालयान कळीत केला की कला सन्मान येवजणेच्या सगळ्यां लावधारकांनी राजपत्रीत अधिकाऱ्यान सय केल्लो हयातीचो दाखलो वर्साक दोन फावट म्हणजे एप्रिल आनी ऑक्टोबर म्हयन्यात संचालनालयाक सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/314

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.